# गोंय राज्य आत्मनिर्भरतेकडेन वाटचाल करता- मुख्यमंत्री

ता. 05 जानेवारी 2022

गोंय राज्य स्वयंपूर्णतेकडेन वाटचाल करीत आसून गोंयांत लागवड करपात येवपी भाजी सध्या हेर राज्यांनी निर्यात जाता, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज रवींद्र भवन, सांखळी हांगा कृशी संचालनालयान आयोजीत कृशी महोत्सवाचे उक्तावण केले उपरांत उलयताना सांगलें.

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी देशाक आत्मनिर्भर करपा खातीर मारिल्ल्या उल्याक लागून गोंय राज्याक स्वयंपूर्ण करपाच्या दिकेन वावर करपा आमकां मदत जाल्या. राज्य सरकाराच्या नुस्तेमारी खात्यान मत्स्य संपदा, निल क्रांती ह्या सारख्या येवजणांची अंमलबजावणी केल्ली आसून नुस्त्या उत्पादनात गोंयांक स्वयंपूर्ण करपा मदत जातली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

प्रशासन समाजातल्या निमाण्या व्यक्तिमेरेन पावोवपाचो सरकाराचो यत्न आसून प्रशासन यंत्रणां त्या दिकेन काम करतात. जनावरां सांबाळ खात्याच्या येवजणेखाला राज्यांतल्या शेतकारांक 20 कोटी रूपयांची मदत वितरीत केल्या. राज्यांत दुकर आनी बोकडां पोसपाच्या वेवसायातय वाड जाल्ली आसा. येणाऱ्या काळांत प्रत्येक तालुक्यात अन्न प्रक्रिया प्रकल्प उबारपाची येवजण आसून शेतकारांच्या म्हालाक योग्य दर मेळपाक मदत जातली, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

उपमुख्यमंत्री आनी कृशीमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी शेती खात्याच्या विंगड विंगड येवजणांची म्हायती दितना गोंय हे शेती प्रधान राज्य करपा खातीर सरकार काम करता, अशें सांगलें. सरकारान म्हामारीच्या काळांत शेतकारांक अर्थीक मदत दिवपाचेय काम केला. शेतकारांक विंगड विंगड येवजणांखाला अनुदान मेळपाक कसलीच अडचण येवची ना, अनुदानाची रक्कम थेट शेतकारांच्या बँक खात्यात जमा करपात येता, अशेंय तांणी सांगलें.

मेळाव्याक उपस्थित शेतकारांक शेती, गोरवां सांबाळ, नुस्तेमारी वेवसाय आनी हेर खात्यांच्या येवजणांची म्हायती करून दिली.

कार्यक्रमाक आदले कृशीमंत्री श्री. रमेश तवडकर, आदले आमदार श्री. वासुदेव मेंग गांवकार, नुस्तेमारी खात्याच्यो संचालक श्रीमती शर्मिला मोन्तेरो, गोरवां सांबाळ खात्याचे उपसंचालक श्री. शिरीष, जिल्हा पंचायत वांगडी गोपाळ सुर्लकर, रवींद्र भवनाचे उपाध्यक्ष विठोबा घाडी, बागायत म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक संदीप फळदेसाय आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्लें.

सुर्लाचे शेतकार विष्णू नाटेकार हांणी शेती वेवसायतलो आपलो अणभव सांगलो.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं उत्तर गोंयांतल्या शेतकारांचो शाल, श्रीफळ आनी यादस्तिक भेटोवन सत्कार केलो.

सुरवातीक कृशी संचालक श्री. नेवील आल्फोन्सो हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

श्रीमती दया तेंडुळकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/19

-

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji